**उच्च माध्यमीक विद्यार्थ्यांखातीर वक्तृत्व सर्त**

ता. 14 जून 2022

पणजेच्या मिनेझीस ब्रागांझा संस्थेन गोंय राज्यांतल्या उच्च माध्यमीक विद्यार्थ्यांखातीर वक्तृत्व सर्तीचे आयोजन केला. ता. 18 जून 2022 दिसा सकाळीं 9.30 वरांसावन पणजे मिनेझीस ब्रागांझा संस्थेच्या सभाघरांत सर्त जातली. गोंय मुक्तीची चळवळ (Freedom Struggle of Goa) असो सर्तीचो विशय आसा.

विद्यार्थ्यांनी चडांत चड 7 मिनटां आनी कमीत कमी 5 मिनटांनी आपले विचार मांडपाक जाय. विद्यार्थ्यांक कोंकणी, मराठी, हिंदी आनी इग्लीश अशा खंयच्याय भाशेंत विचार मांडपाक मेळटले. इत्सूक उच्च माध्यमीक विद्यालयांनी सर्तीखातीर दोन विद्यार्थ्यांक धाडपाक जाय. इत्सूक उच्च माध्यमीक विद्यालयांनी सर्तीखातीर 16 जून 2022 मेरेन आपल्या विद्यार्थ्यांची नावां Email Id: imbpanaji@yahoo.com चेर धाडपाक जाय.

चड म्हायती खातीर 9404165142/0832-2224143 ह्या फोननंबरांचेर संपर्क करचो.

सर्तीउपरांत गोंयांतल्या नामनेच्या स्वातंत्र्य सैनिकांचे उलवप जातले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/411

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji